Panaji

Regional News

26 .09.2025 7.20pm

**राज्यपाल**

राज्यपाल, श्री पूसपति अशोक गजपती राजू हांणी पणजे हांगाच्या “गोमंतभूमि जनक परशुराम” पुतळ्याक भेट दिली.गोंयाक परशुरिम भुमी म्हणटात..म्हणटकत साक्षात परशुराम कशे आशील्ले ते जाणुन घेवपाक आपणे ही भेट दील्या अशे ह्यावेळार राज्यपालान म्हळा.गोय राज्याक संस्कृतीक,इतीहासाचो गिरेस्त असो वारसो आसा ,तशेंच गोय हे 100% साक्षर आशील्ले राज्य अशेय ह्यावेळार राज्यपालान म्हळा. ह्यावेळार पणजी म्हापिलीकेचे मेयर रोहित मोनसेरात हाजीर आशील्ले.

**मुख्यमंत्री**

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजे आझाद मैदानांचेर टी.बी.कुन्हा हांका तांच्या पुण्यतिथी दिसा आर्गा ओपली. स्वातंत्र्य संघर्शाक आपलें जिवीत ओंपून गोंयच्या मुक्ती खातीर झुजपाची प्रेरणा तांणी गोंयकारांक दीली .गोंयाक मुक्ती दीवपाच्या लढ्यात तांचे महत्वाचे योगदान आसा अशे मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार म्हणला.ह्यावेळर वीज मंत्री सुदीन ढवळीकार तशेंच वरीश्ठ सरकारी अधीकारी हाजीर आशील्ले.

**कामगांर आनी रोजगार**

कामगांर आनी रोजगार आयुक्ताच्या कार्यालयान कर्मचारी भविश्य निर्वाह निधी संघटनेच्या गोंय विभागीय कार्यालयाच्या जोड पालवान सेवा पखवाडा मोहिमेचो एक भाग म्हूण ता. 29 सप्टेंबर 2025 दिसा सकाळी 10.30 वरांचेर मल्टिपर्पज हॉल, संस्कृती भवन, पाटो-पणजी हांगा उद्देगीक कामगांर आनी उद्देजकां खातीर जागृताय कार्यक्रमाचे आयोजन केला.मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं कामगांर आनी रोजगार मंत्री श्री. आतानासियो मोन्सेरात हांच्या उपस्थितीत कार्यक्रमाचे उक्तावण जातले.कामगांर सचीव श्री. संदीप जॅकिस, कामगांर भविश्य निर्वाह निधी कार्यालयाचे अतिरिक्त आयुक्त श्री. आरिफ लोहानी, गोव चेंबर ऑफ कॉमर्स एण्ड इंडस्ट्रीजचे अध्यक्ष श्रीमती प्रतिमा धोंड, कामगांर भविश्य निर्वाह निधी संघटनेचे सीबीटी सदस्य सचीन बी. सबनिस, कामगांर आनी रोजगार आयुक्त राजेश एस. आजगांवकर, विभागीय भविश्य निर्वाह निधी आयुक्त रामकेश मिणा,

अतुल कोटकर आनी हेर अधिकारी कार्यक्रमाक उपस्थित आसतले.उद्देगीक कामगांर आनी उद्देजकांक केंद्र आनी राज्य सरकारान कामगारांच्या फायद्या खातीर अंमलबजावणी केल्ल्या प्रधानमंत्री विकसीत भारत रोजगार येवजण, कामगांर आनी मालक नोंदणी प्रोत्साहन येवजण, राज्य कामगांर कल्याण मंडळाच्यो येवजण्यो आनी अशां हेर विवीध येवजण्यांची म्हायती करून दिवप हो ह्या जागृताय कार्यक्रमाचो उद्देश आसा.तशेंच संबंदीत अधिकारी आनी उद्देजकांच्या प्रतिनिधींमदी कामगारांच्या प्रस्नांचेर आनी येवजण्यांचेर चर्चा जातली.

**स्वस्थ नारी सशकत परिवार अभियान**

शिरोडा भलायकी केंद्रा वातीन बोरी आरोग्य उपकेंद्रांत स्वस्थ नारी सशकत परिवार अभियान यशस्वीपणान जालें. ह्या वेळार जाल्या आरोग्य तपासणी शिबिरात शिरोडा पीएचसीची भलायकी अधिकारी डॉ सीमा पै फोंडेकार हांच्या मार्गदर्शना खाला ही कार्यावळ घडोवन हाडली. या कार्यावळीत डॉ रासिया कोलाको (वैजकी अधिकारी), डॉ.उन्मेश,डॉ दीक्षा नादार, बोरीचे  सरपंच जयेश बोरकार आनी पंच वांगडी किरण नायक  हाजीर आशिल्ले , मानेस्तानी दिवे पेटोवन कार्यक्रमाचे उद्घाटन केले. ह्या वेळार  भलायकी  केंद्राचे कर्मचारी प्रियंका नायक, सुमेधा नायक  प्रतिमला गांवकार, विशेश नार्वेकार, हाजिर अशिलले.ह्या कार्यक्रमांत १२३ व्यक्तींनी वांटो घेतलो, उपस्थित कर्मचाऱ्यांनी तांका वेगवेगळी भलायकी सेवा दिल्ल्यो, तातूंत:- सामान्य ओपीडी,आयुर्वेदिक ओपीडी,अशक्तताय, गोडेंमूत, उच्च रक्तदाब, क्षयरोग, आनी कॅन्सर हांची तपासणी,नियमित लसीकरण आनी एचबी तपासणी, भलायकी विशयांचेर जागृताय कार्यावळी जाल्यो.अशी माहिती शिरोडा भलायकी केंद्राचे भलायकी अधिकारी डॉ. सीमा पै फोंडेकर हाणी दिली.

**पे पार्किंग**

उत्तर गोंय जिल्होधिकाऱ्यान ताळगांव पंचायत क्षेत्रात सेंट मायकल चर्च सिमेत्री सामकार आनी सापॉल बाजारात रस्त्याच्या दोनीय वटेन दोन चाकी आनी चार चाकी वाहनांखातीर पे पार्किंग  जोगे अधिसुचीत केल्यात. दोन चाकी वाहनांक चार वरांखातीर 5/- रूपया, चार ते बारा वरांखातीर 10/- रूपया आनी बारा वरां आनी चोवीस परस कमी वरां खातीर 15/- रूपया जाल्यार चाकी वाहनांक चार वरांखातीर 20/- रूपया आनी फुडल्या प्रत्येक वराक 15/- रूपया शुल्क आसतले.

**धोंड नोंदणी**

शिरगांव लईराई देवी देवस्थानान आता धोंड नोंदणी  करप बंधनकारक केला. धोंड नोंदणीखातीर देवस्थान समीतीन खासा अर्ज तयार केल्यात .आता मेरेन 20 हजार धोंडांनी नोंदणी केल्यात उरील्ल्या धोंड भक्तगणांनी 30 संप्टेबर पयली नोंदणी करची अशे आवाहन लईराइ देवस्थान समीतीचे अध्यक्ष दीनानाथ गांवकार हांणी केल्या. लईराइ देवीचे सुमार 70-80 हजार धोंड हे भक्तगण आसात,जाल्यार जात्रेक सुमार 30 हजार धोंड अग्नीदीव्य हया धर्मीक प्रथेत वाटो घेतात .लईराइ देवीच्या जात्रेवेळार फुडारात अशी घडणुक घडची न्ही म्हण  पुराय जतनाय देवस्थान समीतीन घेतल्या.तेच फांटभुयेर धोंड भक्तगणांची नोंदणी करपाचो निर्णय देवस्थान समीतीन घेतला. धोंड नोंदणी अर्जाचेर धोंड आशील्ल्या मनशाचे नाव,नामो,फोन नंबर,पिराय,लिंग, आधार कार्ड नंबर तशेंच अर्जदाराची सय अशी म्हायती भरचे पडटले.

**सचीव संजय जाजू**

म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालय डिजिटल निर्मात्यांक अधिकृतपणान मान्यताय दिवपाचे मार्ग सोदून काडटा, खास करून भौशीक कामां खातीर पुरस्कार करपी म्हत्वाचे फालोविंग आशिल्ल्या युट्युबरांक, एमआयबीचे सचीव संजय जाजू हांणी आयज पणजेंतल्या तिसऱ्या डिजिटल लोकशाय संवादांत उलयतना ही अंतर्दृष्टी वांटली. सरकारी उपक्रमांक चालना दिवपाक निर्मात्यांची वाडट्या भुमिकेचेर भर दितना तांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी डिजिटल निर्मात्यांक मुखेल सांस्कृतीक राजदूत म्हणून पळयतात, भारताचें दायज आनी मुल्यां संवसारभर पातळावपाक म्हत्वाची भुमिका करता हाचेर तांणी भर दिलो.

संजय जाजू हांणी मंत्रालयान चलयल्ल्या वेगवेगळ्या वेव्स उपक्रमां विशीं, खास करून भारतीय प्रतिभेची सृजनशील क्षमता दाखोवपी क्रिएट इन इंडिया चॅलेंज विशीं उलयलें. भारताची मृदु शक्त वाडोवपाच्या व्यापक यत्नांतलो एक भाग आशिल्ल्या हया उपक्रमांत पयलींच म्हत्वाचो वांटो मेळ्ळा.

सचीवान फुडें म्हायती दिली की हया वाडत वचपी निर्मात्यांच्या समाजाक आदार दिवपा खातीर सरकार भारतीय सृजनशील तंत्रज्ञान संस्था सुरू करता, जी सदांच विकसीत जावपी डिजिटल परिदृश्यांत निर्मात्यांक मुखार रावपा खातीर कुशळटाय विकास कार्यावळी दितली. ते भायर, निर्मात्यांक तांचें काम स्केल करपाक आनी मुळावी बांदावळ दिवपाक मदत करपा खातीर वेवेक्स आनी वेव्स बाजार सारकिले उपक्रम सुरू करतात.

**आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिकां**

आदिवासी संशोधन संस्थेन भारताच्या स्वातंत्र्यलढ्यात योगदान दिल्ल्या आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिकांच्यो अस्सल कलाकृती, स्मृतिचिन्हां आनी वैयक्तिक वस्तूंचे संकलन करपाचे काम सुरू केला. फर्मागुडी-फोंडा हांगा उबारपात येवपी आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिक संग्रहालयांत ह्यो कलाकृती, स्मृतिचिन्हां आनी वैयक्तिक वस्तूं प्रदर्शीत करतले.जर खंयच्याय मनशाकडेन गोंयच्या आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिकां संबंदीत अशां तरेच्या कसल्योय कलाकृती, कागदपत्रां, दस्तावेज, फोटो, पत्रां वा वैयक्तिक वस्तूं आसल्यार तांणी मुखार येवन त्यो आदिवासी संशोधन संस्थे कडेन हाडून दिवच्यो. हे योगदान आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिकांचो वारसो सांबाळून दवरपाक आनी तांच्या बलिदानाचो उगडास दवरपाक तशेंच फुडल्या पिळग्यांक तांच्या त्यागाची आनी शूरतायेची म्हायती जावपाक म्हत्वाचे थारतले. आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिकां संबंदीत कलाकृती, कागदपत्रां, दस्तावेज, फोटो, पत्रां वा वैयक्तिक वस्तूं गोंय राज्य अनुसूचित जमाती वित्त आनी विकास महामंडळ, दुसरो माळो, दयानंद स्मृती इमारत, स्वामी विवेकानंद मार्ग, पणजी गोंय हांगा हांडून दिवच्यो वा दान करच्यो.